Aakashvani Panaji National news 8.40 am 22nd Novemember 2025

शाह 120

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी घोषणा केली की फुडले एक वर्स सीमा सुरक्षा दळ (बीएसएफ) च्या आधुनिकीकरणा खातीर आणि बीएसएफ कर्मचाऱ्यांच्या कल्याणा खातीर समर्पित आसतले. गुजरातात भूज हांगा बीएसएफच्या हीरक महोत्सवी स्थापना दिसाच्या सुवाळ्यात उलयताना गृहमंत्र्यांनी सांगले की, गृह मंत्रालयान बीएसएफक जगातले सगळ्यात आधुनिक आणि आक्रमक दल करपाचे पाच वर्षांची मोख दवरल्या. हे वेळार ताणी ओपरेशन सिंदुरावेळार केल्या कारवायेचो उग्दास काडलो(बाइट अमित शाह)

बंडखोरीविरोधी कारवाई विशी मंत्र्यांनी बीएसएफच्या कामाचे कौतुक केले आणि ३१ मार्च २०२६ मेरेन देश नक्षलवादापासून मुक्त जातलो अशे म्हणले. छत्तीसगडात बीएसएफच्या कारवाईक लागुन १२७ माओवाद्यांनी आत्मसमर्पण केले, ७३ जणांक अटक केली आणि २२ जणांक निष्क्रिय केले. त्यांनी जनतेक मतदार वळेरीच्या वेचणूक आयोगाच्या सुरू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (एसआयआर) क पूराय तेको दिवपाचे आवाहन केले आणि ही देशाची लोक शाय सुरक्षित आणि शुद्ध करपाची प्रक्रिया अशे म्हणले. Byte

इफ्फी 90

राष्ट्राची गौरवशाली चित्रपट संस्कृताय तशेंच जागतीक सिनेमा प्रेक्षकांक आनी सिनेमा मोगींक दाखोवपा खातीर आयज सावन 28 नोव्हेंबर मेरेन हो आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी सुरु जालो.आशियांतलो एक पोरनो आनी प्रतिश्ठीत चित्रपट महोत्सव म्हणून भारत आनी संवसारभरांतले चित्रपट निर्माते, कलाकार आनी चित्रपट मोगी एकठांय येतात.

माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन आणि माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाचे सचिव संजय जाजू यांच्या हस्तुकी पणजी गोयात कला अकादमीत या बहुप्रतिक्षित मास्टरक्लासचे उक्तावण केले. byte MURUGAN IFFI WOMEN

फामाद चित्रपट निर्माता मुझफ्फर अली उक्तावणा वेळार आशिल्ले . मुझफ्फर अली हांणी इफ्फी २०२५ चो पयलो मास्टर क्लास घेतलो. byte MUZFFAR AL I

Murmu 57

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल सिकंदराबादच्या राष्ट्रपती निलायम हांगा भारतीय कलामहोत्सवाचे दुसरे आवृत्तीचें उक्तावण केलें. णव दिसांचो हो सांस्कृतीक महोत्सव राष्ट्रपती निलायम संस्कृती मंत्रालय, कापड मंत्रालय आनी पर्यटन मंत्रालयाच्या सहकार्यान घडोवन हाडटा. गुजरात, महाराष्ट्र, राजस्थान, गोंय, दादरा & नगर हवेली, आनी दमन & दीव हें गिरेस्त आनी विविधताय आशिल्लें सांस्कृतीक दायज सादर करपाचो हे महोत्सवाचो हेत आसा.

Pmlabour 75

देशांतले सद्याचे, दशकां पोरने कामगार कायदे सोंपे आनी सुगम करपाचो हेतू आशिल्ले चार नवे कामगार संहिता चालीक लावपाची घोशणा केंद्र सरकारान केली. चार कामगार संहिता चालीक लावपाची तोखणाय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केल्या.

सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान कामगारांच्या हक्कांची राखण करपी फुडाराक तयार आशिल्ली पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाक, राष्ट्राची अर्थीक वाड घटमूट करपाक ह्यो संहिता आदार करतले अशे सांगलें . ताणें ह्या निर्णयाक स्वातंत्र्या उपरांतची एक व्यापक आनी प्रगतीशील कामगार प्रधान सुदारणा अशें म्हणलें.

Rbi 46

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन शिमेभायर फारीकणी करपाक चालना दिवपा खातीर युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस (यूपीआय) प्रणाली हेर न्यायालयांच्या जलद फारीकणी प्रणालीं कडेन परस्पर जोडपाची घोशणा केल्या.

Labour 39

आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटनेच्या महासंचालक गिल्बर्ट एफ हाउंगबोन भारतांत कामगार संहितेची अंमलबजावणी करपाक येवकार दिला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत समाजीक संरक्षण आनी उण्यांत उण्या पगाराचेर काल जाहीर केल्ल्या भारतांतल्या नव्या कामगार संहितेंतल्या घडामोडींचो आपूण  पाळो दिता अशें हौंगबो हांणी सांगलें.

SIR 70

विशेष सघन सुधारणा एसआयआर सुरू जाल्यापासून हजारांनी बेकायदेशीर बांगलादेशी स्थलांतरित पश्चिम बंगालातल्यो वेगवेगळ्या चेकपोस्ट वेल्यान भारत सोडून वतात . बायोमेट्रिक्स घेवुन आणि आवश्यक कागदपत्रांचे काम पूराय केल्या उपरांत सीमा सुरक्षा दल बीएसएफ बांगलादेशी नागरिकांक सीमा रक्षक बांगलादेशच्या ताब्यात दितात. भारतात बेकायदेशीरपणान घुसखोरी करपी कितलेशेच बांगलादेशी स्वरूपनगरच्या हकीमपूर चेकपोस्ट वेल्यान त्यांच्या देशात परतात. काय बेकायदेशीर

घुसखोर १० वर्सापरस चड काळ भारतात रावल्यात आणि मतदान प्रक्रियेत भाग घेतला आणि कितल्योशोच सरकारी कल्याणकारी योजनांमदी त्यांची नावा नोंद जाल्या.

Africa pm 193

आयज सावन दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्गांत जावपी जी-20 फुडाऱ्यांच्या शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतलो. तीन दिसांच्या ह्या मेळाव्यांत प्रधानमंत्री मोदी सगळ्या अधिवेशनांनी वांटो घेतलो आनी जागतीक दक्षिण काळजी, शाश्वत उदरगत, हवामान कृती, उर्जा संक्रमण आनी जागतीक शासनांत सुदारणां सयत भारताचीं मुखेल प्राधान्यां सादर करतले. 2025 वर्साचो विशय “एकवट, समता आनी शाश्वतपण.” दक्षिण आफ्रिकेन आपल्या अध्यक्षपदाच्या काळांत आपत्ती लवचीकपण घटमूट करप, उण्या उत्पन्नाच्या देशांक रिणाची टिकावूपणाची खात्री करप, न्याय्य उर्जा संक्रमणा खातीर अर्थीक आदार एकठांय करप आनी समावेशक आनी टिकावू वाड करपाक म्हत्वाच्या खनिजांचो वापर करप ह्या सारक्या मुखेल प्राधान्यांचेर लक्ष केंद्रीत केलां..प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ऑस्ट्रेलियन समकक्ष अँथनी आल्बानीसा कडेन उलोवणी केली.

Amit shah 135

देशभरांत नव्या कामगार संहितेची अंमलबजावणी केल्ल्यान गृहमंत्री अमित शाहान देशांतल्या कामगारांक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गृहमंत्र्यान , प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला तयार केल्ले हे संहिता कामगार कायद्याच्या इतिहासांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या सुदारणांचें प्रतिनिधित्व करतात अशे सांगलें . ह्या संहितेंतल्यान कामगारांक उण्यांत उणें पगार, समाजीक सुरक्षा, बायल कामगारांक समान संद, असंघटीत कामगारांक कायदेशीर मान्यताय मेळपाची हमी दिल्या अशें  मंत्री शाहा हाणी सांगलें. हे कायदे कामगारांचे जिणेचो दर्जो सुदारतले आनी संवसाराक आदर्श थारतले अशें तांणी सांगलें. देशांतले सद्याचे, दशकां पोरने कामगार कायदे सोंपे आनी सुगम करपाचो हेतू आशिल्ले चार नवे कामगार संहिता चालीक लावपाची घोशणा केंद्र सरकारान काल केल्या.

Imd 109

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अस्तंत मध्य प्रदेशात  थंड ल्हारांचा परिस्तिथीचो  अदमास उक्तायला . तशेंच आयज अंडमान आनी निकोबार जुंवे, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस, गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यानं  उक्तायला.